-

**प्रादेशीक खबरो 26 जानेवारी 2025, सांजेची 7.20 वरां.**

## मुखेल खबरो

संविधान हें फकत एक कायदेशीर दस्तावेज न्हय तर तो अपेक्षांचो दीपस्तंभ आसा आनी आमकां आधुनिक आनी आव्हांनात्मक संवसारात फुडें मार्गक्रमण करपाक मार्गदर्शन करता, अशें गोंयचे राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी म्हळां.

30 मे 2025 मेरेन म्हळ्यारूच येता त्या घटक राज्य दिसा गोंय 100 टक्के साक्षर जातले अशें विधान मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी केलां.

प्रजासत्ताक दीस देशाच्या विविधतायेंत एकता दर्शयता अशें कायदो आनी न्यायमंत्री आलेक्स सिक्वेरा हांणी म्हळां.

आयज देशान दरेक मळार तोखणाय करपा सारखी उदरगत केल्या आनी संवसारीक मळार भारत देशाचो मानसन्मान वाडिल्लो आसा, अशें शेतकी मंत्री रवी नायक हांणी सांगलें.

**संविधान अपेक्षांचो दीपस्तंभ आनी आव्हांनातल्यान वाटचाल करपाक मार्गदर्शन करता-राज्यपाल 375 डीआयपी**

संविधान हें फकत एक कायदेशीर दस्तावेज न्हय. तर तें न्याय, स्वतंत्रताय, समानताय आनी भावपणाच्या तत्वांचो जीवंत पुरावो आसा. तो अपेक्षांचो दीपस्तंभ आसा आनी आमकां आधुनिक आनी आव्हांनात्मक संवसारात फुडें मार्गक्रमण करपाक मार्गदर्शन करता, अशें गोंयचे राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी म्हळां.

ते आयज ताळगांव पठारावयल्या गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर आयोजीत केल्ल्या राज्य पांवड्यावयल्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दिवन आनी संचलनाची पळोवणी केल्या उपरांत उलयताले.

फुडें उलयतना राज्यपालान म्हणलें, ह्या यादस्तीक वावराचो मुखेल शिल्पकार डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर हांणी किर्तवंत राज्य घटनेच्या सभेच्या सहभागान विविधतायेत एकता राखप आनी ह्या म्हान देशाच्या दरेक नागरिकाक सक्षम करपा खातीर आमकां ह्या रचणूकेची भेट दिली.

राज्य सरकारची तोखणाय करतना राज्यपालान सांगलें, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणाखाला गोंय राज्य नेटान उदरगतीची कामां करता. उत्कृश्ट सेवा आनी प्रशासनातल्यान गोंय हे स्वयंपूर्ण, आत्मनिर्भर राज्य करपाच्या उद्देशान गोंय सरकारान भारत सरकारच्या आत्मनिर्भर भारत-गरीब कल्याण कार्यक्रमाच्या धर्तेर “स्वयंपूर्ण गोंय” अभियान सुरू केला.

गांवांची उदरगत करून ग्रामीण अर्थ वेवस्था सुदारप हो ह्या कार्यक्रमाचो एकमेव उद्देश आसा. दरेक गोंयकाराच्या जीणेत परिवर्तन हाडून गोंय आत्मनिर्भर करपा खातीर सरकार अंत्योदय, सर्वोदय आनी ग्रामोदय तत्वाचेर काम करता. सरकारच्यो येवजण्यो दरेक प्र नागरिका मेरेन पावोवपा खातीर थळाव्यो संस्था, सरकारी विभाग आनी स्वयंपूर्ण मित्रांच्या सहकार्यान विशेश उपक्रम राबोवपात येता, अशें राज्यपालान फुडें सांगलें.

गोंयचे लोक बऱ्या मनाकाळजाचे, शांत, मोगाळ आनी इश्टागत करपी स्वभावाचे आसात.

गोंयांत वेगवेगळ्या समाजातले लोक सलोख्यान रावतात. अलोकीक सोबितकायेन गोंयांक संवसारातले फामाद पर्यटन स्थळ केला. गोंय आकारान देशांतले एक ल्हान राज्य आसले तरी देशांतले अदीक दरडोई येणावळ आशिल्ले राज्य आसा. गोंय हे भरभराटीचे राज्य जावन आसा. देशांत गोंयच्या आर्थिक उदरगतीचे प्रमाण अदीक आसा. गोंय राज्य रस्ते, रेल्वे, दर्या मार्ग तशेंच विमान येरादारी वरवीं मुखेल शारां आनी वेपार तशेंच वाणिज्य केंद्रांक जोडिल्लें आसा, अशें राज्यपालान सांगलें.

गोंय हे देशांतले नेटान उदरगत करपी राज्य आसा. सगळ्या वर्गांनी देशांतल्या सगळ्या राज्यांमदी गोंय उत्कृश्ट क्रमाकाचे राज्य आसा. देशांतल्या पयल्या तीन उत्कृश्ट राज्यांमदी गोंयचो आस्पाव जाता. साधनसुविधांच्या बाबतीत अकराव्या वित्त आयोगान गोंयांक उत्कृश्ट राज्य म्हूण जाहिर केला, अशेंय राज्यपालान सांगलें.

ह्या वेळार उत्कृश्ट प्रशासकीय सेवे खातीर राज्यपाला हस्तुकीं उच्च शिक्षण सचीव प्रसाद लोलयेकार,

पुलीस अधिक्षक अक्षत कौशल आनी प्रधान मुख्य रानपाल प्रविण कुमार राघव हांचो मुखेलमंत्री पुरस्कार भेटोवन सन्मान केलो.

प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्याक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, राज्यसभा खासदार सदानंद तानावडे, एडव्होकेट जनरल देविदास पांगम, पुलीस महासंचालक आलोक कुमार, आमदार, सरकारी सचीव, अधिकारी, स्वातंत्र्य सैनिक, विद्यार्थी आनी नागरीक उपस्थित आशिल्लें.

मुखेलमंत्री –

30 मे 2025 मेरेन म्हणल्यारुच ह्या येवपी घटक राज्य दिसा गोंय 100 टक्के साक्षर जातले अशें विधान मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी केलां. सध्या गोंयांत साक्षरतेची टक्केवारी चौद्याण्णव टक्के आसा अशी म्हायती तांणी दिल्या.

मुखेलमंत्री डॉ सावंत गोंय शिक्षण संचालनालय आनी राज्य शिक्षण संशोधन मंडळाच्या जोडपालवान नवभारत शिक्षण अभियान ह्या उपक्रमा वरवीं आयोजित उल्हास ह्या कार्यावळींत मुखेल सोयरे म्हूण उलयताले.

जे नागरीक शिंकुक पावुंक ना अशा व्यक्तीं खातीर शिक्षण दिवन तांका साक्षर करपाचो उपक्रम केंद्र सरकारान 2002 वर्सा सांवन नवभारत साक्षरता अभियान ह्या उपक्रमा वरवीं सुरु केला. गोंयात लेगीत अशा अशिक्षित लोकांक शिक्षित करपाचे काम सध्या सुरू आसा.

खास करुन गोंयच्या जेश्ठ नागरीकांनी ह्या उपक्रमाचो लाव घेतला.तांका स्वतचे नांव बरोवपाक कळचें, वेळ कितलो जाला, पैशे कशे मेजप, तशेंच सदच्या जीणेंत लागपी गजाली कश्यो वाचप , समजुन घेवप हे विंशी ह्या उपक्रमा वरवीं मार्गदर्शन जाता अशी म्हायती ह्यावेळार SCERTची संचालक मेघना शेट्ये हांणीं दिली. ह्यावेळार उच्च शिक्षण संचालक प्रसाद लोलयेकार, शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे, तशेंच सांख्यिकी आनी मुल्यांकन खात्याचे संचालक विजय सक्सेना हाजीर आशिल्ले.

हया उपक्रमावरवी शिक्षण घेतिल्या व्यक्तींक मुखेलमंत्री सावंत हांचे हस्तुकीं प्रमाणपत्रा दिवपाची, तशेंच शिक्षण दिवपी समन्वयकांच्या भोवमानाची कार्यावळ ह्या वेळार जाली.

**प्रजासत्ताक दीस देशाच्या विविधतायेत एकता दर्शयता - आलेक्स सिक्वेरा 165 डीआयपी**

प्रजासत्ताक दीस देशाच्या विविधतायेंत एकता दर्शयता. भारताचे नागरिक प्रजासत्ताक दीसा देशाचे संविधान स्विकारिल्ल्याचो उत्सव मनयतात, अशें कायदो आनी न्यायमंत्री आलेक्स सिक्वेरा हांणी

आयज मडगांवा दक्षिण गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालय प्रकल्पात आयोजीत प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयल्या उपरांत उलयतना सांगलें.

आलेक्स सिक्वेरा हांणी लोकांक प्रजासत्ताक दिसाची परबीं भेटयतना सांगलें, ह्या वर्सा प्रजासत्ताक दीस “स्वर्णिम भारत, दायज आनी विकास” ह्या संकल्पनेचेर मनयतात. संविधान स्विकारून आमचो देश सार्वभौम राष्ट्र जाले. संविधानान देशाच्या नागरिकांक स्वातंत्र्य, समानताय, न्याय, आनी भावपणाच्या अधिकाराची खात्री दिल्या, अशें तांणी सांगलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला देशान साधन सुविधांच्या मळार तोखणायेची उदरगत केल्या. गोंय सरकारय मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सांवत हांच्या फुडारपणा खाला राज्याची नेटान उदरगत करता. सरकारान समाजातल्या दरेक घटकाच्या उदरगती खातीर वेगवेगळ्यो येवजण्यो चालीक लायल्यात. हातूंत शेतकार, ल्हान वेवसायिक, सामान्य नागरिक आनी विद्‍यार्थ्यां खातीरच्या येवजण्यांचो आसपाव आसा अशें मंत्री सिक्वेरा हांणी सांगलें.

सुरवातीक सिक्वेरा हांणी पुलीस, होमगार्ड आनी विद्‍यार्थ्यांच्या संचलनाची पळोवणी करून मानवंदना दिली.

ह्या वेळा आमदार उल्हास तुयेंकर, जिल्होधिकारी इग्ना क्लिटस, पुलीस अधिक्षक सुनिता सावंत, स्वातंत्र्य सैनिक आनी सरकारी अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

**फोंडेच्या इतिहासीक क्रांती मैदानाचेर प्रजासत्ताक दीस मनयलो 200**

भारत देशाच्या स्वातंत्र्या खातीर म्हान फुडारी आनी स्वातंत्र्य सैनिकांनी केल्लो संघर्श आनी त्यागाक लागून आयज आमी आमच्या देशाची उदरगत करपाक शकले. आयज देशान दरेक मळार तोखणाय करपा सारखी उदरगत केल्या. संवसारीक मळार भारत देशाचो मानसन्मान वाडिल्लो आसा, अशें शेतकी मंत्री रवी नायक हांणी सांगलें. फोंडेच्या क्रांती मैदानार आयोजीत प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यांत राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयले उपरांत ते उलयताले.

देशाच्या संविधानान दरेक नागरिकाच्या कल्याणाची आनी विकासाची खात्री दिल्ली आसा. प्रत्येकांक समान हक्क दिल्ले आसा आनी अभिमानान जीण जगपाचो अधिकार आसा. संविधानान दिल्ल्या हक्कांक लागून आयज आमी शांतीकायेन जगतात, अशें मंत्री रवी नायक हांणी म्हणलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाल‍ा केंद्र सरकार देशाच्या विकासा खातीर नेटान प्रयत्न करता.

आयज गोंय राज्यान लेगीत उदरगतीच्या दरेक मळार उत्कृश्ट प्रगती केल्या. लोकांनी शांतीकाय आनी सलोखो राखून राज्याच्या उदरगती खातीर सरकाराक सहकार्य करपाची गरज आसा,अशें मंत्री नायक हांणी सांगलें.

मंत्री नायक हांणी तिरंगो बावटो हुबयले उपरांत पुलीस पंगडाच्या संचलनाची पळोवणी करून मानवंदना दिली.

ह्या वेळार फोंडा वाठारांतल्या विविध शाळांच्या विद्यार्थ्यांनी देशभक्तीचेर गीतां सादर केली.

कार्यावळीक फोंणें नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष आनंद नायक, अतिरिक्त जिल्होधिकारी विशाल कुंडयकार, उपजिल्होधिकारी शुभम नायक, पुलिस उपाधिक्षक शिवराम वायंगणकार, कमांडिंग ऑफिसर, स्वातंत्र्य सैनिक, सरकारी अधिकारी, शिक्षक, विद्यार्थी आनी हेर नागरीक उपस्थित आशिल्लें.

राजेश फळदेसाय 75

कुमारजुंवेंचें क्रिकेट मैदान देशांतल्या आधुनिक मैदानां सारकें विकसीत करपाची येवजण आसा. फुडल्या कांय दिसांनी मैदानाचे उदरगती खातीर बुन्याद घालपाचे आसात. फुडाराक हांगा रणजी क्रिकेट मच्ची जावच्यो हे नदरेनूय आमी पावलां उखलतले, अशें कुमारजुंवेचे आमदार राजेश फळदेसाय हांणी सांगलें.

ते दुसरे अखिल गोंय लदर बा◌ल क्रिकेट सर्तीच्या उक्तावणा वेळार उलयताले.

तंदुरुस्तीक उर्बा दिवपा वांगडाच तरणाट्यांक तांची प्रतिभा दाखोवपाची संद दिवपाची गरज आसा. तांकां वेवसायीक खेळांनी करियर करपाक अशे तरेच्यो सर्ती म्हत्वाच्यो अशें फळदेसाय हांणी सांगलें.